**गोंय वैजकीय म्हाविद्यालयाचो पंगड प्रस्नमंजुशा सर्तीत जैतवंत**

ता. 16 डिसेंबर 2021

गोंय सरकाराच्या म्हायती आनी प्रसिध्दी संचालनालयान गोंय मुक्तिच्या 60 व्या वर्सानिमतान आंतर म्हाविद्यालयीन राज्य पावंड्याचेर Goa through the Ages ह्या विशयाचेर पणजे मिनेझिस ब्रागांझा संस्थेच्या सभाघरांत आयोजीत केल्ल्या प्रस्नमंजुशा सर्तीत गोंय वैजकीय म्हाविद्यालयाचो पंगड जैतवंत थारलो. गोंय वैजकीय म्हाविद्यालय पंगडाचे झिबेन पायस आनी चिनार खरंगटे हांका सर्तीचे पयले इनाम फावो जाले. व्ही. एम. साळगांवकर कायदो म्हाविद्यालयाच्या पंगडाक दुसरे , धेंपे कला आनी विज्ञान म्हाविद्यालयाच्या पंगडाक तीसरे, साखळीच्या सरकारी कला, विज्ञान आनी वाणिज्य म्हाविद्यालयाच्या पंगडाक चौथ्ये आनी पर्वरीच्या विद्या प्रबोधिनी वाणिज्य म्हाविद्यालयाक पाचवे इनाम फावो जाले.

म्हायती अधिकारी श्री. प्रकाश नाईक, क्विज मास्टर श्री. नागेश सरदेसाय, पालवी म्हायती अधिकारी श्री. श्याम गांवकार हांचे हस्तुकीं जैतवंत पंगडांक इनामां भेटयली.

म्हायती सहाय्यक कु. रंजना मळीक हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/1052

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji